२२.०१.२०२५    सकाळी ७.२५ वरां

आकाशवाणी पणजी

केंद्रीय रस्तो येरादारी आनी म्हामार्ग मंत्री नितीन गडकरी हाणी गोंयांतल्या वेगवेगळ्या म्हामार्ग प्रकल्पांचें उक्तावण केले तशेच ते राष्ट्राक समर्पित केले. देशांत दर वर्सा रस्तो अपघातांत सुमार 1 लाख 80,000 लोकांक मरण येता आनी शाळेंचे प्रवेश आनी भायर सरपाचे सुवातेर लेगीत रस्ते सुरक्षीत ना आनी सरकारान तें सुदारपाचो यत्न करचो अशें केंद्रीय रस्तो येरादारी आनी म्हामार्ग मंत्री नितीन गडकरी हांणी सांगले. ते काल गोंयांतल्या वेगवेगळ्या म्हामार्ग प्रकल्पांचो बुन्यादी फातर बसयतना उलयताले. ह्या उक्तावण जाल्ल्या प्रकल्पांक लागून क्रूझ पर्यटन आनी आयात-निर्यात क्षेत्राक चालना मेळटली अशें गडकरी हांणी फुडें सांगलें. गोंय प्रदुशण मुक्त तशेच अपघातमुक्त करपा खातीर गोंय सरकारान यत्न करचे अशें आवाहन तांणी केलें. तशेंच म्हामार्गांच्या कुशीक झाडां रोवपाची तरतुद करची अशी शिफारस तांणी केल्या.

वेर्णा ते मुरगांव चारपदरी मार्ग मुरगांव बंदराकडे जोडपी ६४४ कोटी रूपया खर्चाच्या उड्डाण पूलाचें उक्तावण तशेंच ४२०० कोटी रुपया  खर्चाच्या गोंयातल्या चार वेगवेगळ्या म्हामार्ग प्रकल्पांचे वर्चुअल प्रद्धतीन उक्तावण केल्या उपरान्त केंद्रीय मंत्री उलयताले.

हातुंत MES collage junction ते बोगमाळो आनी केणी जंक्शनमेरेनचो फ्लायओव्हर,मडगांव बायपास ते झुवारी अप्रोचीस मेरेनचो चौपदरी रस्तो,नावेली ते कुंकळ्ळी मेरनचो चौपदरी रस्तो ,भेंडेडो ते पोळे चौपदरी रस्तो आनी भोम ते फोंणे चौपदरी रस्त्याचो आसपाव आसा. येरादारीच्या बाबतीन गोंयाक केंद्र सरकारान केन्नाच कमी पडपाक दिवंक ना. मुरगांव बंदराक जोडपी मार्ग उकतो जाल्ल्यान मुरगांव बंदरातलो व्यवसाय वाढोवपाक मजत जातली तशेंच पर्यटक व्यवसाय वाडटलो अशी म्हायती केंद्रीय मंत्री गडकरी हाणी दिली. नवो मार्ग तयार जाल्ल्यान आता वास्को शांर आनी सरभोवतणी जावपी प्रदुषण नियंत्रणा खाला येतलें अशेय ताणी सांगले.

मुखेलमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हाणें आपणाल्या उलोपांत मुरगांव बंदरातलो नवो उड्डाण पूल येरादारी खातीर उकतो जाल्ल्यान मुरगांव बंदर, रेल्वे आनी विमानतळ हांचे मदी आता संपर्क उरपाक मदत जातली. फाटल्या ११ वर्सांक केंद्र सरकारान गोंया खातीर ४० हजार कोटीची मजत दिल्ल्याचें सांगताना डबल इंजीन सरकार आशिल्ल्यान हे शक्य जाला अशें डॉ. सावंत हाणी म्हळा.

गोंयातल्या श्वेत कपिला जातीच्या गाईक अधिकृतपणान देशी गाय म्हूण मान्यताय मेळळ्या.

पोन्ने गोंयच्या शेतकी संशोधन मंडळाचे अधिकारी डॉ. संजयकुमार विठ्ठलराव, हांका ह्या संदर्भातल्या कामाचो मान फावो जाता. नवी दिल्लीत हालीच जाल्ल्या एका कार्यावळीत गोंयच्या देशी जातीच्या श्वेत कपिला गाईक अधिकृत पणान ही मान्यताय मेळळ्या आनी तशें पशु जाती नोंदणी प्रमाणपत्र मेळळा. देशातल्या थळाव्या गोधन जातींचे जतन आनी वळख हाचेखातीर हो म्हत्वाचो पांवडो थारतलो. आता गोयातल्या श्वेत कपिला जातीचे गायचे उपचारिकणान नॅशनल ॲनिमल जेनेटिक रिसोर्सेस डेटाबेस पुस्तकांत दस्तावेजीकरण जाला.

स्वीस फाउंडेशनाच्या जीकॅमतर्फे गोंय वैजकी म्हाविद्यालयात 50 जाणांच्या हातीचेर दुर्धर शस्त्रक्रीया जातल्यो. शिबीराच्या पयले दिसा सोमारा 4 जाणांचेर शस्त्रक्रीया जाल्यो. पुराय शिबीरात 50 जाणांचे शस्त्रक्रीया जातल्यो, अशी म्हायती गोंय वैजकी म्हाविद्यालय इस्पितळाचे डीन डॉ. शिवानंद बांदेकार हांणी दिली.

डॉ. मार्को लँझेटा बर्तानी (स्वीत्झर्लंड), जीओवन्नी विटले (इटाली), अलेस्ला मोरेथ ह्या तज्ज्ञांनी ह्यो शस्त्रक्रीया केल्या. गोंय वैजकी म्हाविद्यालयाच्या पलास्टिक सर्जरीचे मुखेली डॉ. युरी डायस आनी हेर दोतोरांनी लेगीत शस्त्रक्रीयेत वाटो घेतलो.

स्वीस फाउंडेशनाच्या जीकॅम सयत गोंय वैजकी म्हाविद्यालयान कबलात केल्या. जीकॅमचे तज्ज्ञ दोतोर गोंय वैजकी म्हाविद्यालयात येवन हातीच्यो दुर्धर शस्त्रक्रीया करतात.